Date: 20/04/2026 राष्ट्रीय खबरो 6.30 PM

Panaji National 20 April 2026 6:30 am

राष्ट्रापती द्रौपदी मुर्मू 30

फाल्यां राष्ट्रापती ओडिशा राज्यक भेट दितल्यो. दीसभर चलपी ह्या भेटींत राष्ट्रपती द्रौपदी मूर्मू रौरकेला हांगा जावपी भौशीक कार्यावळींत प्लॅनेटरी आनी विज्ञान केंद्र, तशेच निर्मल मुंडा परिवेश मार्गाचें उक्तावण करतल्यो.

पीएम मोदी 67

भारत आनी दक्षिण कोरिया हांणी आयज खेळ, सांस्कृतीक आनी सृजनशील उद्देगाच्या मळार सहकार्याखातीर आनी उद्देगीक सहकार समिती स्थापन करपाखातीर चार समजिकायेच्यो कबलाति केल्यात. आयज नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी दक्षिण कोरियाचे राष्ट्राध्यक्ष ली जे म्यंग हांचे मदीं जाल्ले उलोण्या उपरांत ह्यो समजिकायेच्यो कबलाति जाल्यो.

जागतीक तणावाच्या ह्या काळांत भारत आनी कोरिया एकठांय येवन शांतताय आनी स्थिरतायेचो संदेश दितात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणलां.

सुजाता शर्मा LPG 100

अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या संकश्टाच्या फाटभुयेर देशभरांतली एलपीजी पुरवण स्थीर आसा अशें सरकारान आयज सांगलें. सरकार प्रभावी वेवस्थापनाखातीर देशी एलपीजी उत्पादन वाडोवप,

शार आनी गांवगिऱ्या वाठारांनी बुकींग काळ वाडोवप, आनी डायव्हर्शन आडावपा खातीर डिलिव्हरी प्रमाणीकरण संहिता चालीक लावप ह्या सारखी जायतीं म्हत्वाचीं पावलां उबारता अशे नवी दिल्लींत आंतर मंत्रालयीन म्हायती दितना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयांच्यो सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें.

डिलिव्हरी प्रमाणीकरण कोडाचो वापर णव्वद टक्क्यां मेरेन वाडोवपाचो सरकाराचो हेत आशिल्लो, पूण तो पयलींच ब्यान्नव टक्क्यां मेरेन पावला अशें ताणी नदरेक हाडलें. फाटल्या पांच दिसांच्या आंकडेवारी प्रमाण 5 किलो सिलिंडरांचीय विक्री वाडल्या. वेपारी पुरवणूय 70 टक्क्यां मेरेन परतून मेळ‌ळया अशें तिणें सांगले

बायलां आरक्षण विधेयक आडयल्या कारणान आता विरोधकांक परिणामांक तोंड दिवचें पडटलें अशें संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी आयज म्हणाला

**नेताजी सुभाष चंद्र 61**

नेताजी सुभाष चंद्र बोस हांका 'राष्ट्रीय पूत' ही पदवी दिवपाचो आनी तांच्या संबंदीत म्हत्वाच्यो तारखो राष्ट्रीय दीस म्हूण कळोवपाचो यत्न आशिल्लो भौशीक हिताचो दावो सर्वोच्च न्यायालयान आयज न्हयकारलो. भारताचे मुखेल न्यायाधीश सूर्य कांत आनी न्यायाधीश जॉयमल्या बागची हांच्या फुडारपणा खाला खंडपिठान पिनकपाणी मोहंती हाणी दाखल केल्ली याचिका घेवपाक न्हयकार दिला. अशीच याचिका हाचे पयलीं दाखल करून ती न्हयकारल्याचे न्यायालयान नदरेक हाडलें.

रेल्वे सेवा 54

आगामी तीन म्हयन्यांत भारतीय रेल्वे कंपनी देशभरांत अठरा हजार दोनशे बासष्ट ‘समर स्पेशल’ रेल्वे सेवा दिवपाची आसा. प्रवाशांक सुगम आनी सोयीस्कर प्रवास मेळचो म्हूण हे म्हत्वाचे उपाय केल्याचे रेल्वे मंत्रालयान जाहीर केलां. अंदूं 15 एप्रील ते 15 जुलय मेरेनच्या काळा खातीर वट्ट णवशे आठ ‘समर स्पेशल’ गाडयांक  मान्यताय मेळळया अशें मंत्रालयान फुडें नदरेक हाडले .

खेळ  23

आयपीएल क्रिकेटांत आयज अहमदाबादेच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांत गुजरात टायटन्स आनी मुंबय इंडियन्स हांचे मदीं सामनो जातलो. सांजवेळा 7:30 वरांचेर हो सामनो जावपाचो आसा.

हवामान 55

भारतिय हवामान खात्यान  फुडले दोन ते तीन दीस उदेंत आनी अस्तंत राजस्थान, उत्तर प्रदेश, मध्य प्रदेश, विदर्भ, छत्तीसगड आनी झारखंडान उश्णताय ल्हारांचो अदमास उक्तायला. मजगतीं, फाल्यां मेरेन अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालयांत एकसुरे सुवातेर पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो.